13th August 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- भारत देश, semiconductor क्षेत्रांत नेटान उदरगत करून, आपल्या डिजिटल फुडाराक उर्बा दिवपाक, एक घटमूट यंत्रणा तयार करता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- विदेशी दबाव आसून लेगीत, वेपार करारांत घेतील्ल्या धाडसी निर्णया खातीर, देशभरांतल्या शेतकारांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानल्यात.
- सरकारान, विदेशात रावपी भारतीय नागरिकांखातीर नेम, खर केल्यात.
- भारताच्या नम्रता बत्रान, चीनात आयोजित संवसारीक खेळा सर्तीत, बायलांच्या वुशु खेळात पयले पदक जिखून, इतिहास घडयलो.

PM सेमीकंडकटर - 110

भारत semiconductor क्षेत्रांत नेटान उदरगत करून, आपल्या डिजिटल फुडाराक उर्बा दिवपाक आनी जागतीक नवनिर्माणाक चालना दिवपाक एक घटमूट पर्यावरण यंत्रणा तयार करता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि आंध्र प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाबांतल्या semiconductor युनिटांक मान्यताय दिवपा संबंदीत, केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या निर्णयाक लागून उत्पादन क्षमता वाडटली, उच्च कुशळटायेच्यो नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो आनी भारताक जागतीक पुरवण साखळींत, मुखेल घटक म्हूण सुवात मेळटली. केंद्रीय मंत्रीमंडळान काल चार नव्या semiconductor उत्पादन युनिटांक मान्यताय दिल्या, जाचो अदमासा प्रमाण चार हजार 594 कोटी रुपया खर्च येतलो. प्रधानमंत्र्याच्या अध्यक्षपदा खाला, मंत्रीमंडळान हो निर्णय घेतला, अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.

शेतकार सरकार -

परकीय दबाव आसून लेगीत, वेपार करारांत घेतील्ल्या धाडसी निर्णया खातीर, देशभरांतल्या शेतकारांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानल्यात. शेतकार संघटनेच्या फुडाऱ्यांनी काल नवी दिल्लींत, केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांचे कडेन बसका घेवन, शेतकारांच्या हिताची राखण करपा खातीर, सरकारान घेतिल्ल्या निर्णायक कृती खातीर उपकार मानले.

OCI नागरिक - 70

गृह मंत्रालयान, भारतीय परदेशी नागरिकांचेर नियंत्रण दवरपाचे नेम, खर केल्यात. दोन वर्सां वा ताचे परस चड काळ, बंदखणीची ख्यास्त फर्मायल्यार, वा सात वर्सां वा ताचे परस चड बंदखणीची ख्यास्त दिवपी गुन्यांवाचेर, आरोपपत्र दाखल केल्यार, ओसीआय नोंदणी रद्द करतले, अशें मंत्रालयान सांगलां. गृह मंत्रालयान केल्ली हि अधिसुचोवणी, नागरीक कायदो, 1955, आनी नागरीकत्व नेम, 2009 हांच्या तरतुदी खाला येता, जातूंत केंद्र सरकाराक थारायिल्ल्या अटीं खाला OCI नोंदणी रद्द करपाचो अधिकार दिला.

GADKARI - 40

जैवइंधन आणि हरित हायड्रोजनचे उत्पादन आणि वापर वाढयल्यार, भारत ऊर्जा निर्यात करपी देश थारूंक शकता, अशे केंद्रीय रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी यांनी सांगले. जागतिक जैव - इंधन दिसानिमित्त काल पुण्यात 'बायो-व्हर्स' उपक्रमाच्या उक्तावणा वेळार गडकरी उलयताले.

(Byte – Nitin Gadkari)

दुरुस्ती विधेयक - 60

लोकसभेन खण आनी खनिज (उदरगत आनी नियमन) दुरुस्ती विधेयक, 2025 संमत केलां. ह्या विधेयकांतल्यान खण आनी खनिज (उदरगत आनी नियमन) कायदो, 1957 हातूंत आनीक दुरुस्ती जातली. सद्याच्या भाडें करारांत, हेर खनिजां

जोडपा खातीर, लीज धारक राज्य सरकाराक अर्ज करपाक शकता, अशी तरतूद ह्या विधेयकांत केल्या. तातूंत लिथियम, ग्रेफाइट, निकेल, कोबाल्ट, भांगर, रुपें हांचो आस्पाव जाता.

ऑलिंपियाड - ६०

खगोलशास्त्र आनी खगोल भौतिकशास्त्रावेल्या १८ व्या आंतरराष्ट्रीय ऑलिंपियाडाक कालसावन मुंबयत सुरुवात जाली. १० दिस चलतल्या ह्या कार्यावळीत ६४ देशांतले सुमार ३०० विद्यार्थी वाटेकार जाल्यात.

वैज्ञानिक जिज्ञासा पोसपाक आनी तरनाट्यांक सक्षम करपाखातीर भारत कटिबद्ध आसा अशें ह्या कार्यावळीवेळार तांच्या व्हिडिओ संदेशात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगले. भारत सहकार्याच्या शक्तीचेर विस्वास दवरता आनी हे ऑलिंपियाड त्याच भावनेचे प्रतिबिंब, अशेंय तांणी म्हळे.

Lok Rajya PARLIAMENT - 95

वेगवेगळ्या मुद्द्यांवेल्यान विरोधी पक्षांच्या गोंधळाक लागुन काल लोकसभा, दनपार १२ मेरेन तर राज्यसभा दनपार २ मेरेन स्थगित केली. लोकसभेचे कामकाज सकाळी ११ वरांचेर सुरू झाले, तेन्ना विरोधी सदस्यांनी घोषणाबाजी सुरू केली आणि त्यांच गोंधळाच्या वातावरणात, ग्रामीण विकास राज्यमंत्री चंद्रशेखर पेम्मासानी हांणी प्रधानमंत्री आवास योजना - ग्रामीण अंतर्गत, संबंधित प्रश्नाचेर उतर दिले. राज्यसभेचे कामकाज सुरू झाले, तेन्ना उपसभापती हरिवंश यांनी शून्य वर सुरू करपाचो यत्न केलो, तेन्ना निषेध करपी सदस्यांक तांच्या सुवातेर परत वचपाचे आणि सभाघराक शून्य वर सुरू करपाची परवानगी दिवपाचे आवाहन केले. बोवाळ सुरू उरील्यान, उपसभापतींनी कामकाज दनपार २:०० मेरेन स्थगित केले.

(Byte – Harivansh)

IRB आसाम - 160

पुलिस अकादमीत प्रशिक्षण घेतिल्या गोंयच्या, IRB पुलिसांच्या तुकडीची पासिंग आऊट परेड, काल जाली. फाटल्या १० म्हयन्यात, गोंयच्या ७०० पुलिसांचे ह्या अकादमीत, प्रशिक्षण जाला. हांतुन ५६९ दादले आनी १३१ बांयला पुलिसांचो आसपाव आसा. ह्या गोंय पुलिशेच्या पासिंग आऊट परेडीच्या कार्यावळीक गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, तशेंच आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्त बिस्वा शर्मा तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोंय आनी आसाम राज्य भौगोलिक रित्या पयस आसात. गोंय सराकरान आसामच्या पुलिस अकादमीत, गोंय पुलिशेक प्रशिक्षण दिवपाक धाडील्यान आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्ता बिस्वा शर्मा हांणी गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे उपकार मानल्यात. गोंय राज्यासयत देशाच्या सेवेत ह्या पुलिसांनी सदाच तप्तर रावचे, अशे आवाहन तांणी, पुलिसांक केला.

BYTE- HIMANTA BISWA SARMA ( ASSAM CM)

गोंयचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी विकसित भारतावांगडा, विकसित गोंय करतना, पुलिसांची सेवा नागरीकांक न्याय दिवपाच्या नदरेतल्यान, महत्वाची आसा, अशे म्हणला. पुलिस कोन्सेटबल हो पुलिस सेवेतलो मुळावो घटक आसा. ह्या प्रशिक्षणातल्यान, गोंयची न्यायवेवस्था आनीक घटमुट जातली, असो विस्वास ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

BYTE- DR. PRAMOD SAWANT ( GOA C.M)

HAR GHAR TIRANGA - 100

संस्कृति मंत्रालयान काल नवी दिल्लीत, हर घर तिरंगा अभियान अंतर्गत तिरंगा बाइक रैलीचे आयोजन केले. संस्कृति आनी पर्यटन मंत्री, गजेंद्र सिंह शेखावत, मंत्री किरण रिजिजू, संजय सेठ आनी दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी हेरानी, ह्या रैलीचे फुडारपण केले. ही रैली स्वतंत्रता दिसा आदी, मनोवपी वर्सुकी उत्सवाचो एक वांटो आशिल्लो. हेवेळार मंत्री शेखावत हांणी सांगले, कि तिरंगो देशाक एकतेच्या सूत्रान बांदता आनी आमका देशाखातीर आपले प्राण अर्पण केल्ल्या जवानांचो, उगडास करून दिता.

(Byte – Gajendra Singh Shekhavat )

संवसारीक खेळा सर्त – १००

चीनातल्या चेंगडूत काल जाल्ल्या २०२५ च्या संवसारीक खेळा सर्तींत बायलांच्या ५२ किलो वुशु खेळा प्रकारात भारताच्या नम्रता बत्रान रुप्या पदक मेळोवन इतिहास घडयलो. संवसारीक खेळा सर्तींत वुशु खेळाप्रकारात भारताचे हे पयलेच पदक आसा. दादल्यांच्या कंपाउंड तिरंदाजी सर्तींत ऋषभ यादवच्या कांश्यापदकाउपरात हे देशाचे दुसरे पदक आसा. २४ वर्सां पिरायेच्या नम्रता बत्रान फाटल्या वर्सा आशियाई वुशु चॅम्पियनशिप सर्तींत लेगित रुप्या पदक मेळयल्ले.

आयएमडी हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज, जम्मू-काश्मीर, उत्तराखंड आनी तेलंगनात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो, रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच शुक्रारा मेरेन जम्मू-काश्मीरांत आनी ह्या म्हयन्याचे 17 तारखे मेरेन तेलंगणात, घोघ्यानी पावस पडटलो, असो अदमास आयएमडीन उक्तायला. छत्तीसगड, विदर्भ, कर्नाटकात, जगला आनी वादळी वारें संयत, गडगड मारपाची शक्यताय आसा, अशेंय हवामान खात्यान कळीत केलां.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारत देश, semiconductor क्षेत्रांत नेटान उदरगत करून, आपल्या डिजिटल फुडाराक उर्बा दिवपाक, एक घटमूट यंत्रणा तयार करता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

- विदेशी दबाव आसून लेगीत, वेपार करारांत घेतील्ल्या धाडसी निर्णया खातीर, देशभरांतल्या शेतकारांनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानल्यात.

- सरकारान, विदेशांत रावपी भारतीय नागरिकांखातीर नेम, खर केल्यात.

- भारताच्या नम्रता बत्रान, चीनात आयोजित संवसारीक खेळा सर्तीत, बायलांच्या वुशु खेळात पयले पदक जिखून, इतिहास घडयलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार